# पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेडा कडल्यान सीएसआर उपक्रमां खाला गोंय सरकाराक 2.18 कोटी

26 फेब्रुवारी 2026

पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेड उद्देगान आयज मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत पर्वरी मंत्रालयांत गोंय सरकाराक सीएसआर उपक्रमां खाला 2.18 कोटी रूपयांचो धनादेश सुपूर्द केलो. गोंय सीएसआर प्राधिकरणाच्या समन्वयान राज्यांत विकास प्रकल्प आनी समाज कल्याणकारी उपक्रमांक योगदान म्हूण कंपनीन सरकाराक ही रक्कम दिल्या.

1996 सावन वेर्णा उद्देगीक वसणूकेंत कार्यरत आशिल्ल्या पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेड कंपनीन गोंयच्या समाजीक विकासाच्या उपक्रमांक सातत्यान योगदान दिला. सध्याची सीएसआर मजत शाश्वत विकास आनी तळागाळातल्या लोकांच्या उदरगती खातीरच्या प्रयत्नांक आदार दिवपाच्या उद्देशान दिल्या.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें, "सीएसआर ही न्हय फकत एक वैधानिक जापसालदारकी जाल्यात ती एक मजबूत आनी समावेशक समाज निर्माण करपा खातीरची सामूहिक वचनबद्धता आसा. जेन्ना उद्देग आनी सरकार पारदर्शकता आनी जापसालदारकेन एकवटान काम करतात तेन्ना तळागाळात विकास अदीक प्रभावी, समावेशक आनी शाश्वत जाता". राज्यातल्या समाजीक विकासाक मजत करून सामुदायिक पायाभूत सुविधा वाडोवपाक आनी कल्याणकारी उपाय येवजणांक आदार दिवपाक सीएसआर योगदानाची मजत जातली, अशें तांणी सांगलें.

ह्या वेळार मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांदवेलू, पेंटेअर कॉर्पोरेट ऑफिसच्यो वरिश्ट उपाध्यक्षा श्रीमती जेनिफर हेन्सली, पेंटेअर कॉर्पोरेट ऑफिसचे उपाध्यक्ष श्री. जैमे चाकोन, पेंटेअर वॉटर इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेडचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. रघुनाथ माने, डीपीएसईचे संचालक आनी गोंय सीएसआर प्राधिकरणाचे जोड मुख्य कार्यकारी अधिकारी श्री. विजय बी. सक्सेना आनी हेर अधिकारी उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2026/144

--

---------------------------------------------------------------------------------------------


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.